०२-०४-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो -

वक्फ दुरुस्ती विधेयक आयज लोकसभेत मांडटले.

कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटनेन भोव-बँकिंग केंद्रीकृत संकलन प्रणालीत आनीक १५ बँको जोडल्यात.

फाटल्या आर्थिक वर्सात देशाची अक्षय ऊर्जा क्षेत्रात सुमार ३५ टक्क्यांनी वाड जाल्या, अशे नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी म्हळा.

फाटल्या सप्तकांत म्यानमारांत जाल्ल्या विध्वंसक भूंयकांपांत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 2,719चेर पाला. 'ऑपरेशन ब्रह्मा' खाला भारताचे बचाव कार्य सुरु.

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल  जाल्ल्या खेळात पंजाब किंग्ज पंगडान लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडाक ८ गड्यानी हारयले.

वक्फ - २००

वक्फ दुरुस्ती विधेयक आयज लोकसभेत मांडटले. सभाघरात विधेयकाचेर चर्चा करपाखातीर ८ वरांचो वेळ दवरला अशें संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू

हांणी  म्हळा. वेवसाय सल्लागार समितीच्या बसकेत गरज पडल्यार चर्चेखातीर वेळ वाडोव येता हाचेरुंय  एकमत जाला, अशेंय तांणी सांगले. सरकार उक्त्या चर्चेखातीर आनी विधेयकावेल्या सगळ्या प्रस्नांची जाप दिवपाक तयार आसा अशेंय रिजिजू उलयले. विरोधी पक्ष तुष्टीकरणाच्या राजकारणाक लागून कायद्याक विरोध करतात असो आरोप लेगीत रिजिजू हांणी केलो.

भारतीय जनता पक्ष आनी राष्ट्रीय लोकशाही आघाडी पक्ष - जेडीयू आनी तेलुगू देसम पक्षानूंय तांच्या सगल्या खासदारांक लोकसभेत हाजीर रावपाखातीर व्हीप जारी केला.

कॉँग्रेस पक्षान लेगित तांच्या सगल्या खासदारांक लोकसभेत हाजीर रावपाक सांगला.

वक्फ दुरुस्ती विधेयकाचेर तांची रणनीती आखपा हेतान संसदेच्या दोनूंय सभाघरात इंडिया अलायन्सच्या फुडा-यांनी काल नवी दिल्लीत एक बसका घेतली. हातूंत कॉँग्रेस फुडारी राहुल गांधी आनी मल्लिकार्जुन खरगे, समाजवादी पक्षाचे प्रा. राम गोपाल यादव, तृणमूल कॉँग्रेसचे कल्याण बॅनर्जी, द्रविड़ मुनेत्र कड़गम के टी.आर. बालू तशेच आम आदमी पक्षाचे संजय सिंह हांचो आस्पाव आशिल्लो.

वक्फ मालमत्तेच्या वेवस्थापन आनी संचालन संबंदीत उणाव पयस करप हो दुरुस्ती विधेयकाचो मुखेल हेत आसा. फाटल्या वर्सा ऑगस्टांत लोकसभेंत हें

विधेयक मांडलें. ह्या विधेयकाचेर फुडलो विचार करपा खातीर भाजपा खासदार जगदंबिका पाल हांच्या फुडारपणा खाला संयुक्त संसदीय समिती तयार केल्ली. समिती कडेन सुमार 97 लाख सुचोवण्यो मेळ्ळयात.

म्यानमार भूंयकाप - ७०

फाटल्या सप्तकांत म्यानमारांत जाल्ल्या विध्वंसक भूंयकांपांत मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो 2,719चेर पावला. साडेचार हजारां परस चड लोक गंभीर जखमी जाल्यात आनी चारशें एकचाळीस लोक बेपत्ता आसात. म्यानमाराचे लश्करी मुखेली मिन उंग ह्लवाइंग हांच्या म्हण्ण्या प्रमाण मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो वाडपाची शक्यताय आसा.

संकश्टा उपरांत वाठारांत आदार आनी बचाव कार्य सुरु आसा. भारत ‘ऑपरेशन ब्रह्मा’ खाला म्यानमाराक आदार साहित्य आनी मजत  करीत आसा.

फाटल्या सप्तकांत म्यानमारांत 7.7 तीव्रतेचो भूंयकांप आयिल्लो. थायलंड, व्हिएतनाम, लाओस आनी नैऋत्य चीन ह्या वाठारांनीय ताचो परिणाम जालो.

मांडवीय - ११०

कर्मचारी भविष्य निर्वाह निधी संघटनेन भोव-बँकिंग केंद्रीकृत संकलन प्रणालीत आनीक १५ बँको जोडल्यात. ह्यासयत, ह्या पॅनेलात आस्पावित आशिल्ल्या सरकारी आनी खाजगी बँकांची संख्या 32साचेर पावल्या. काल नवी दिल्लीत जाल्ल्या कबलातींचेर सय करताना कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय लेगित हाजीर आशिल्ले. ईपीएफओ वरवी सुमार आठ कोटी वांगड्यांक आनी ७८ लाखांपरस चड पेन्शनधारकांक सामाजिक सुरक्षा आनी हेर लाव मेळता अशें मांडवीय हांणी सांगला. ईपीएफओ एक सुलभ आनी कार्यक्षम बँक म्हूण स्थापन करपाखातीर ईपीएफओ ३.० म्हणून विकसित जायत आसा. नव्यान आस्पावित जाल्ल्यो १५ बँको दरवर्सा सुमार १२ हजार कोटी रुपयांचे थेट पेमेंट करतले तशेच कर्मचारी ह्या बँकांकडेन थेट वेव्हार करूंक शकतले अशें कामगार आनी रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय हांणी सांगले.

के.पी. शर्मा ओली - ९०

नेपाळचे प्रधानमंत्री के.पी. शर्मा ओली काल तांचे थायलंडचे समपदेस्त पैटोंगटार्न शिनावात्रा हांच्या आपोवणेवेल्यान बँकॉकात जावपी बिमस्टेक शिखर परिषदेत वाटेकार जावपाखातीर भायर सरले. फाटल्या वर्सा जुलै म्हयन्यात चौथे फावट पदभार स्वीकारल्याउपरांत ओली हांचो हो पयलोच थायलंड दौरो आसा. १ ते ५ एप्रिल मजगती थायलंडात ६व्या बिमस्टेक शिखर परिषदेचे आयोजन जाता. विदेश मंत्रालयाच्या सूत्रांनी दिल्ल्या माहितीप्रमाण, ह्या भेटीवेळार ओली आनी थायलंडचे राजा वजिरा-लॉन्गकॉर्न हांच्यामदी शिश्टाचार बसका जातली.

प्रधानमंत्री ओली थायलंडातल्या मुखेल उद्योजकांबरोबर लेगित बसका घेतले आनी बिमस्टेक शिखर परिषदेत तशेच एशियन इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजीत लेगित उलोवप करतले.

प्रल्हाद जोशी - १४०

फाटल्या आर्थिक वर्सात देशाची अक्षय ऊर्जा क्षमता विक्रमी २५ गिगावॅटान वाडल्या. फाटल्या आर्थिक वर्सात ह्या क्षेत्रात सुमार ३५ टक्क्यांनी वाड जाल्या, अशे नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी काल नवी दिल्लीत सांगले. अक्षय ऊर्जेच्या बाबतीत, सौर ऊर्जेच्या क्षेत्रात सगळ्यात चड वाड जाल्या अशें तांणी सांगले. सुमार ३८ टक्क्यांनी वाडून सुमार २१ गिगावॅट जाल्या. येरादारी क्षेत्र आनी घरा कार्बनमुक्त करतले, अशेंय तांणी सांगले. ते खातीर कम्प्रेस्ड सैमिक गैस आनी  पायपातल्यान सैमीक वायू हांचे मदीं मिश्रण करून बायो-सीएनजी सुरू करतले अशेंय तांणी म्हळे. प्रधानमंत्री कुसुम येवजणेतूंत बरी प्रगती जाल्या. प्रधानमंत्री सूर्य घर मोफत वीज येवजण सुरू जाले तेन्नासावन , फाटल्या आर्थिक वर्सात १ लाख दहा हजारांपरस चड परीवाराक  ताचो लाव जालो आनी  सुमार ७ लाख नोकऱ्यो निर्माण जाल्यो अशेंय मंत्री जोशी हांणी सांगले.

अक्षय ऊर्जा मळार जाल्ली कामगिरी ही उदरगतीच्या दिकेन एक व्हड पावल आसा अशें सोशल मीडिया पोस्टात प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळा.

माणिक साहा - ६०

राज्यात बेकायदेशीर घुसखोरी आडावपाखातीर खूपशी पावला उखल्ल्यात अशें त्रिपुराचे मुखेलमंत्री माणिक साहा हांणी म्हळा. हातूंत आंतरराष्ट्रीय शीमेवेल्या वाठारांनीत जोडपणान गस्त आनी छापे घालप आनी जिल्लो पावंड्यार मनीस तस्करी आड युनिट्सची स्थापणूक करप हांचो आस्पाव आसा. मुखेलमंत्री साहा हांणी काल त्रिपुरा विधानसभेत एका प्रस्नाक जाप दिताना हेविशी सांगले. शीमेचेर सक्रिय आशिल्ल्या बेकायदेशीर घुसखोर आनी दलालांआड गुन्यांव दाखल करतात अशेंय मुखेलमंत्री माणिक साहा हांणी हेवेळार सांगले.

इस्रायल - ६०

हमास बंधकांक सोडपाक न्हंयकार दिवन झूंज सुरू दवरपाखातीर यत्न करीत आसा अशें इस्रायलान म्हळा. हमास गाझाच्या लोकांची इत्सा आनी रागाकडेन दुर्लक्ष करीत आसा आनी स्वतःच्या नागरिकांचेर दडपशाही करता अशें इस्रायलच्या विदेश मंत्र्यांनी सांगले. हमासान ह्या सप्तकात गाझा पट्टीत खूपश्या लोकांचो छळ केल्याउपरांत तांची हत्या केली. लेबनॉन तांच्या देशात कार्यरत आशिल्या इस्रायलआड आतंकवादी संघटनांक सोपोवपाखातीर कारवाई करतलो अशी आस्त लेगित  विदेश मंत्र्यांनी मंत्र्यांनी उक्तायली.

अमित शहा - १००

देशात नक्षल ग्रस्त जिल्ह्यांची संख्या 6 चेर पावला, अशें केंद्रीय घरमंत्री अमित शहा हांणी म्हळा .

देशातल्या नक्षलवादान सगळ्यात चड ग्रस्त आशिल्ल्या जिल्ह्यांची संख्या 12 वेल्यान 6 मेरेन उणी करताना भारतान  नक्षलवादमुक्त भारत उबारपाच्या दिकेन एक व्हड पावल मारताना, एक नवो पावंडो हुंपला अशें केंद्रीय घरमंत्री आनी सहकार मंत्री अमित शाह हांणी म्हळा.

X ह्या सोशल मीडीया पोस्टवरवी अमित शाह हांणी ह्या संदर्भात म्हायती दिली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखालच्या केंद्र सरकारान नक्षलवाद आड खर दृष्टिकोन दवरला तशेच उदरगतीखातीर खर यत्नांनी एक सशक्त, सुरक्षित आनी समृद्ध भारत घडयता अशेंय तांणी म्हळा. भारतातल्यान 31 मार्च 2026मेरेन नक्षलवाद पूराय पणान ना करपाचो मोख सरकारान दवरला अशेंय मंत्री शहा हांणी म्हळा.

MD – 80

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या पांच दिसांत दक्षिण द्वीपकल्पीय भारतातल्या कांय वाठारांनी गडगड, जोगला मारून आनी गारपीट आनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज केरळ, माहे आनी दक्षिण कर्नाटकत आनी फाल्यां
तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक आनी उत्तर कर्नाटकात व्हड प्रमाणांत पावस पडटलो. फुडल्या 2 ते 3 दिसांत गुजरात, ओडिशा, मध्य महाराष्ट्र, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, यानम आनी रायलासीमाचेर गडगड, वीज आनी वराक 60 किलोमीटर वारें मारून हलको ते मध्यम पावस पडटलो.

आयपीएल - १०१

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल लखनऊच्या एकाना क्रिकेट स्टेडियमात जाल्ल्याखेळात पंजाब किंग्ज पंगडान लखनऊ सुपर जायंट्स पंगडाक ८ गड्यानी हारयले. पंजाब किंग्ज पंगडान कुरुबावलो जिकून पयली गोलंदाजी करपाचो निर्णय घेतलो. त्याउपरांत, लखनौ सुपर जायंट्स पंगडान निर्धारित २० षटकांत ७ बाद १७१ धावंड्यो केल्ल्यो. त्याउपरांत पंजाब किंग्ज पंगडान १६.२ षटकात दोन गडे वगडावन दिल्ले मोख पूराय केले.

ह्या जैता उपरांत पंजाब किंग्ज ४ गुणांसयत दुसऱ्या सुवातेर पावला आने लखनऊ पंगड दोन गुणांसयत सव्या सुवातेर आसा. रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू गुणतालीकेत पयल्या सूवातेर आसा.

आयज बँगलोरात एम ए चिदंबरम स्टेडियमात आरसीबी आनी गुजरात टायटन्स पंगडामदी खेळ जातलो. हो खेळ सांजे ७.३०क सुरु जातलो.